PANAJI

REGIONAL NEWS

18.06.2026 @ 7.20 PM

- गोंय क्रांती दीसाच्या फांटभुयेर आयज राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू, मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत, विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी गोयच्या सुटके झुजाऱ्यांक आर्गा ओपली
- मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी पणजी पुलीस मुख्यालयाच्या नव्या संकुलांखातीर आयज बुनयादी फातर घालो
- फ्लॅट नावार करपा खातीर १५ दिसां भितर म्हजें घरा भशेन म्हजो फ्लॅट येवजण येतली, अशी घोशणा मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केल्या.
- मनोहर पर्रिकर खेळां उत्कुष्टता केंद्रात 19 जून क सांजेच्या 3.00 वराचेर 10 आनी 18 वर्सां पिराय गटांतल्या चलें आनी चलयांचे पंगड निवडपा खातीर निवड चाचणी आयोजीत केल्या

गोंय क्रांती दीसाच्या फांटभुयेर आयज राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू, मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत ,विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी गोयच्या सुटके झुजाऱ्यांक आर्गा ओपली. गोंयचे मुक्ती चळवळींत वांटो घेवपी लोकांनी केल्ल्या त्यागाचो उगडास करून स्वातंत्र्याच्या संघर्शांत आपले दायज तिगोवन दवरपाची राज्याची वचनबद्धताय जण एका गोयकारान तिगोवन दवरची अशे हेवेळार राज्यपाल पुसापती अशोक गजपथी राजु हांणी म्हणला.

विकसीत गोंय करपा खातीर सगल्या गोंयकारांचो तेको आसपाक जाय अशें मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी म्हणले. गोंयचे संवसारीक आनी देशी आकर्शण घटमूट करून देशाची पर्यटन राजधानी म्हूण राज्य सरकार सक्रीयपणान वावुरता अशें तांणी सांगलें.2014 उपरांत गोंयांत म्हत्वाची उदरगतीची गती दिसून आयल्या अशे ताणी म्हणले.
स्वातंत्र्य झुजाऱ्यांचे आनी तांच्या कुटुंबा संबंदीत जायत्या प्रस्नांचेर उपाय काडपा खातीर गोवा स्वातंत्र्य झुजारी संघटनेचे अध्यक्ष रोहिदास देसाय हांणी मुख्यमंत्री तशेंच कर्मचारी निवड आयोगाच्या उपक्रमाची तोखणाय केली. पात्र उमेदवारांक फायदो जातलो आनी भरती प्रक्रियेंत पारदर्शकता सुदारतली हे सकारात्मक पावल अशें तांणी म्हणलें.गोंयांतल्या स्वातंत्र्य झुजाऱ्यांच्या

कल्याणा कडेन दिल्ल्या आदार आनी लक्ष दिवपा खातीर मुख्यमंत्र्याचे देसाय हांणी उपकार मानले.

१८ जून १९४६ ह्या दिसा राम मनोहर लोहिया हाणी मडगाव हांगा जाल्ले सभेत गोयकरांक 'जय हिंद' हो नारो दिलो आणि ह्या घोशणेन पुराय गोयकारांच्या मनात क्रांतीची कीट पेटवयली. त्या घडणुकेचो उगडास म्हणून हो दिस म्हणून मनयतात. अंदू हे घडणुकेक ८० वर्सा पुराय जातात. त्या निमतान आज मडगाव हांगा घडोवन हाडिल्ल्या सुववाळयात भौशीक बांधकाम मंत्री दिगंबर कामत हाणी डॉ. राम मनोहर लोहिया तशेच गोय मुक्ती झुजात आपले प्राण ओपिल्ल्या सगळया सुटके झुजाऱ्यांक आर्गां ओपली.
ह्या वेळार उलयतना कामत हाणी गोय राज्य उदरगतीच्या मार्गार वाट चलता आणि गोयांत साधन सामग्री वाडोवपा खातीर केंद्र सरकारान गोयाक २ हजार कोटी रुपयांचे अनुदान दिला अशी माहिती दिली. गोयत एकलोय मनीस स्वतःच्या मालकीच्या घरापसून पयस उरचो न्हय हे खातीर मुखेल मंत्री प्रमोद सावंत हाणी म्हजे घर ही येवजण सुरू केल्या आणि आतामेरेन हजारभर लोकांक हे येवजणेखाला घराची मालकी मेळल्या अशें ताणी सांगले. काणकोण कला आणि संस्कृती मंत्री रमेश तवडकार हाणी चावडी हांगाच्या हुतात्मा स्मारकाचेर फुलां ओपून हुतात्म्यांक आर्गां ओपली.

गोंयच्या स्वातंत्र्य झुजाऱ्यांच्या बलिदानाची याद दवरपाचें म्हत्व सांगून उदका संसाधन मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी तरणाट्यांक तंत्रगिन्यानाच्या युगांत नवनिर्माण आनी सृजनशीलताय आपणावन देशभक्ती मुल्यांची सांभाळची अशें आवाहन केलें.क्रांती मैदान,फोंडा हांगा जाल्ल्या 'गोवा क्रांती दीस' कार्यावळींत उलयतना शिरोडकार हाणी म्हणलें कि तरणाट्या पिळगेक स्वातंत्र्य संघर्शाची जाणविकाय आसची आनी गोंयच्या गिरेस्त दायजाचो अभिमान बाळगूंक जाय.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी पणजी पुलीस मुख्यालयाच्या नव्या संकुलांखातीर आयज बुनयादी फातर घालो.ह्या इमारतीचे बांधकाम गोंय साधन सुविधा उदरगत म्हामंळ करता .ह्या प्रकल्पाखातीर ₹45.62 कोटी रूपया सरकार खर्च करता. ह्या नव्या इमारतीक लागुन गोय पुलिसांक आधुनिक मुळाव्यो सुविधा, अत्याधुनिक तंत्रज्ञान आनी लोकाभिमुख प्रशासकीय व्यवस्था मेळटली अशे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.

ह्या कार्यावळी वेळार  मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकी गोय पुलिशेक 97 मोटरसायकली वाटल्यो. ह्या मोटरसायकलींचो राज्यभर गस्त वाडोवपाक, आनी आपत्कालीन परिस्थितींत बेगोबेग प्रतिसाद दिवप सोपें जातली अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

फ्लॅट नावार करपा खातीर १५ दिसां भितर म्हजें घरा भशेन  म्हजो फ्लॅट येवजण येतली, अशी घोशणा मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केल्या.
मेरशे सहकार सेवा भवनाच्या उक्तावणा उपरांत मुखेलमंत्री  डॉ. प्रमोद सावंत उलयताले. ह्या वेळार सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकार, सांताक्रुझ मतदारसंघाचे आमदार रुडोल्फ फर्नांडीस, सहकार निबंधक आशितोष आपटे आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.
लोकांक स्वताचें घर घेवप कठीण आशिल्लें.  ताका लागून लोकानी तयार फ्लॅट घेतले. मात तें फ्लॅट विकतें घेतकत तो म्हजो फ्लॅट उरूंक ना. लोकानी  बिल्डराकडल्यान फ्लॅट विकतो घेतलो मात अजूनय तो फ्लॅट नांवार ना. फ्लॅटाचे दस्तावेज नात. तांचे कडेन फकत भागधारक प्रमाणपत्रां आसा ना जाल्यार प्रतिज्ञापत्राचे कागद आसात. इमारत ४० वर्सां पोरणी जावन लेगीत सुवात खऱ्या धनयाच्या नांवार आसा आनी इमारत बांदपी बिल्डर गोंयांत ना.
हे खातीर सहकार निबंधक, सहकार सचीव आनी महसूल सचीव सुटसुटीत म्हजें फ्लॅट येवजणेचेर काम करतात. १५ दिसांनी म्हजें घरा भशेन म्हजो फ्लॅट येवजण तयार जातली.
'सहकार से समृध्दी' ही संकल्पना आमचे सहकार मंत्री अमित शहा हांणी देशाक दिल्या. सहकारांतल्यान जर समृध्दी घडोवपा खातीर सगळयाच्या सहकार्याची गरज आसा, असो उलो मुखेलमंत्र्यांनी मारला.

प्राचीन कलाकुसरीच्या परंपरा काळाच्या ओघात लुप्त जावपाचो भंय आशिल्या सांस्कृतिक फाटभुंयेर, खेम राज सुंद्रियाल यांची भारतीय हातमाग परंपरांचे एक संरक्षक म्हण वळख आसा.खेम राज यांनी नवीन डिझाइन्स, विणकाम तंत्रा आणि कार्यपद्धतींचो अवलंब केला, जाका लागुन पानिपतच्या या हस्तकलेचो दर्जो उंच जावपाक मदत झाली. त्यांच्या मार्गदर्शनाखाल विणकरांनी अधिक उत्कृष्ट दर्जाची हातमाग वस्त्रा तयार करपाक सुरुवात केली; या वस्त्रांक देशांतर्गत आणि आंतरराष्ट्रीय बाजारपेठांनी व्हड मागणी मेळली आणि परिणामी पानिपतचे रूपांतर एका महत्त्वपूर्ण निर्यात केंद्रात झाले. तांच्या ह्याच कार्या खातीर तांका २०२६ वर्साचो भारताचो सर्वोच्च नागरी पुरस्कार पदमश्री फाव जाला byte

दिवचल म्हालातल्या मये  मतदारसंघाच्या सर्वांगीण उदर्गतीखातीर गोंय सरकार सदांच  मदत करतले. मये  मतदार संघाचे आमदार प्रेमेंद्र शेट हे आमदार म्हण सध्या बरी कामगिरी करता आनी  लोकांचो तांका  बरोच तेको मेळटा अशें मत मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं उक्तायले. मयेच्या  उदर्गतीखातीर  सरकार जे तऱ्हेंन  मतदार संघात मदत करता,ताकालागून मयेकरांच्या वतीन आमदार प्रेमेंद्र शेट  हाणीं सरकारचे उपकार मानले तशेच हे मुखार लेगीत  उदर्गत घडोवन हाडपाखातीर मये मतदारसंघातल्या लोकांनी आपल्याक सहकार्य करचे अशें आवाहन केलें.

मडगाव हांगाच्या गोमंत विद्या निकेतन हे संस्थेचो तीन दिसांचो पंचमवेद नाट्य महोत्सव 19 जून सावन सुरु जातलो. हे संस्थेचे अध्यक्ष सलील कारे हाणी आज घेतिल्ले पत्रकार परिषदेत ही माहिती दिली. सर्गेस्त काशीनाथ दामोदर नायक हांचे यादिस्तीक या महोत्सवात दोन मराठी आणि एक हिंदी नाटक सादर करतले. २१ जून मेरेन हो महोत्सव चालू आस्तलो.

कदंब येरादारी म्हामंडळान दिव्यांग व्यक्तींखातीर आपली फुकट प्रवास येवजण आतां आंतरराज्य बस सेवांखातीर लागू केल्या. पयलीं ही सवलत फकत गोंया भितर चलपी बसी पुरतीच मर्यादीत आशिल्ली, पूण ही नवी सुविधा १ जुना सावन अमलांत आयल्या.

खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान मनोहर पर्रिकर खेळां उत्कुष्टता केंद्रात 19 जून क सांजेच्या 3.00 वराचेर 10 आनी 18 वर्सां पिराय गटांतल्या चलें आनी चलयांचे पंगड निवडपा खातीर निवड चाचणी आयोजीत केल्या.

पणजी वेधशाळेन दिल्ल्या आदमासाप्रमाण राज्यांत फुडले 3 दिस उश्ण आणि दमट हवामान आसतले. राज्यांतल्या उत्तर गोंय आनी दक्षिण गोंय जिल्ह्यांतल्या वाठारांनी सांजवेळार वा उपरांत हलको पावस पडपाची शक्यताय आसा.